**Aakashvani Panaji Regional Bulletin 7.25 am 20th October 2025**

**Cm wishes**

**मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिवाळी सणाच्या शुभ प्रसंगार गोंयच्या लोकांक परबीं भेटयल्या आनी दिवाळीचो सण प्रत्येक नागरिकाच्या जीणेत खुशालकाय आनी समृध्दी घेवन येव, अशी प्रार्थना केल्या.मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात दिवाळीचो सण मनयतना आमी राज्याच्या कोनशा-कोनशाक गिज्ञानाचो उजवाड पसरावया. “आत्मनिर्भर भारत, स्वयंपूर्ण गोंयचे उद्दीश्ट पुराय करपा खातीर लोकांनी थळावीं उत्पादनां खरेदी करपाक प्राधान्य दिवचे आनी राज्याच्या उदरगतीक हातभार लावचो. दिवाळीचो सण मनयतना आमी पर्यावरणपुरक उत्पादनाचो वापर करूया आनी उत्सव सुरक्षीत आनी प्रदुशणमुक्त करूया. दिवाळीचो सण प्रत्येकाच्या जीणेत नवी ऊर्जा आनी खुशालकाय घेवन येव. एकवटाच्या भावनेन दिवाळीच्या उजवाडान लोकांची मनां-काळजां प्रकाशमान जाव , अशें मुख्यमंत्री म्हणटा.**

**Goa governor**

**गोंयचे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी दिवाळीच्या शुभ आनी उमेदीच्या प्रसंगार गोंयच्या लोकांक उर्बेभरीत परबीं भेटयल्या.राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, दिवाळी सणाविशीं लाखांनी लोकांच्या काळजात विशेंश स्थान आसा. दिवाळी सण उजवाडान काळखाचेर, ज्ञानान अज्ञानाचेर आनी सद्गुणांनी वायटाचेर मेळयिल्ल्या जैताचे प्रतिक आसा. दिवाळीच्या सणानिमतान कुटुंबां एकटाय येतात, दिवें आनी कंदील पेटोवन घरांनी रोशणाय करतात आनी समाजात हो सण व्हडा उमेदीन आनी भक्तिभावान मनयतात. दिव्यांच्या ह्या सोबीत उत्सवाच्या प्रसंगार हांव सगळ्यां लोकांक समाजाखातीर**

सकारात्मक योगदान दिवपाचो आनी गोंय आनी राष्ट्राखातीर पर्जळीत, अदीक आस्पावीत आनी शाश्वत फुडार निर्माण करपा खातीर एकवटान काम करपाचो उलो मारता अशें राज्यपालान आपल्या संदेशात म्हणटा.

CNRT
आकाशवाणी पणजी केंद्र कंत्राटी पद्धतीचेर खबरा वाचका खातीर अर्ज मागयता. पदवी धर कोंकणी भाशेचे पुराय गिन्यान तशेंच भाषांतर करपाचेर प्रभुत्व आसप गरजेचे. अर्ज पावपाची निमणी तारीख 20 oct आसा. अधिक माहिती खातीर आकाशवाणीच्या खबरा विभागा कडे संपर्क साधचो.

Ravi naik

सर्गेस्त रवी नायक हे जनमाणसाचे फुडारी आशील्ले.तांची राजकीय किरकिर्द मार्गदर्शन करपी आसा.संघंर्श आसु वा आव्हाहन रवी नायक हांणी राजकारणात ताका धाडसान हाताळ्ळा अशे महाराश्टाचे मुखेलमंत्री देवंद्र फडणवीस हांणी म्हळा.

Byte- Devendra fadanvis
सर्गेस्त रवी नायक हांका आर्गा ओपपा खातीर आयज गोंय सरकारावतीन पणजे कला अकादमीच्या मास्टर दीनानाथ मंगेशकर सभाघरात शोकसभेचे आयोजन केल्ले. ह्यावेळार मंत्री,आमदार,तशेंच भाजप कार्यकर्ते आनी रवी नायक हांच्या हीतचिंतकांनी हजेरी लायील्ली.

नगरसेवक,मंत्री, मुखेलमंत्री,खासदार अशो राजकिरणातल्यो रवी नायक हांची भुमिका सदाच उगडास दवरपासारखी आसा.कुळ मुंडकिरांचो विशय तांच्या सामको काळजाकडलो,भंडारी समाजाची एकी दवरपाचे बाबतीन लेगीत रवी नायक हांचे योगदान महत्वाचे आसा. तांका लोंकाबशेन हांव सुद्धा पात्राव म्हणटालो.रवी नायक हे आपल्या अणभवाचेर निंबुन आमका राजकारणात लेगीत मार्गदर्शन करताले अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हळा.

**SUBHASH**

अज्ञानाच्या काळखांतल्यान ज्ञानाच्या उजवाडात व्हरपी दिव्यांचो उत्सव 'दिवाळी' आयज मानेता . पांच दिसांचो हो उत्सव धन त्रयोदशी सावन सुरू जाला. प्रतिकात्मक रुपान नरकासूराचो वध करून , कृष्णाचे पूजन करून राज्यातलो दिवाळी उत्सव सुरू जाता. १४ वर्सांचो वनवास सोपोवन श्रीराम अयोध्येक परत आयील्ल्याचो दिस म्हळ्यार दिवाळी अशीँय एक आख्यायिका आसा. सकाळी आंगाक उटणें , तेल लावन न्हावन नवे कपडे घालून समेस्त गोंयकार भाव दिवाळेंक येवकार दिता .

**Weather**

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत चंडांत चड तापमान डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर ऊनयात उणे डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले काय दिस काय वाठरांनी हल्को ते मध्यम प्रमाणात पावस पडू येता .

## स्पोर्ट्स

गोय फुटबॉल संघटनेचे विभाग 3 सशठ झोन लीग सरतींत कुडतारी जिमखाना आनी सरझोरा स्पोर्ट्स कलुबन आप आपली मॅच जिकली .मेची रोजरी चरचीच्या मैदानार जाली कुडतारी जिमखानान यूनायटेड क्लब ऑफ वेरनाक 5-1 गोल फरकानी हारायलो .